Panaji Regional 2nd April 2025 7.25am

राजेश 105

दिवचल म्हालातल्या मये मतदार संघातल्या कारापुर सर्वण ग्राम पंचायतीच्या नवीन इमारतीचे उक्तावण मुखेल सोयरें म्हण मुख्यमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं जाले . तांचे बरोबर मानाचे सोयरे म्हणून मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, कारापूर सर्वण ग्रामपंचायत सरपंच तनवी सावंत आनि जिल्हा पंचायत वांगडी महेश सावंत तशेच हेर मानेस्त हजर आशील्ले. आपल्या गावाची आनि पंचायत वाटाराची नितळसाण राखपा खातीर ग्रामपंचायतीन तशेच ग्रामपंचायतीच्या पंच सदस्यांनी कश्ट करपाची गरज आसा. आपल्या परिसराक निवळ दवरून आपल्या ग्रामपंचायतीक गोंयातली आदर्श पंचायत करपाखातीर पावल उबारपाची गरज आसा आनि अशे जर गोयातल्या दरेका पंचायतीन केले ,तर गोयातल्यो सगळ्यो पंचायती आदर्श पंचायती जावपाक मदत जातलीं अशे मत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें.

गणेश 85

मगोसयत भारतीय जनता पक्षाची युती सेगीत उरतली. मंत्रीमंडळ फेरबदलाचेर सुकाणू समितीच्या बसकेत चर्चा जावंक ना, अशी माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सुकाणू समितीच्या बसके उपरांत दिली. भारतीय जनता पक्षाच्या सुकाणू समितीची बसका काल पणजेत जाली. प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक, आमदार दिगंबर कामत, आदले खासदार विनय तेंडुलकार बसकेक हाजीर आशिल्ले. राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतली अनधिकृत घरां आनी बांद कामांनी गोंयकारांच्या बांद कामांचोय आस्पाव आसा. देखून सरकारान अनधिकृत बांदकाम मोडपाचो विचारपूर्वक निर्णय घेवचो अशी मागणी मंगळारा भाजपाच्या कोअर समितीच्या वांगड्यांनी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांका केली.

Ganesh – 90

वाहनांची नोंदणी तशेच तालावातल्यान येरादारी खात्याक मेळपी येणावळ फाटले वर्साच्या तुळेत अंदूच्या वर्सा उणी जाल्या. 2023 - 24 हे अर्थीक वर्सा येरादारी

खात्याक 507.63 कोटींची येणावळ मेळील्ली. अंदू म्हंजे 2024 - 25 हे अर्थीक वर्सा 384.37 कोटींची येणावळ आयल्या. ही येणावळ डिसेंबर मेरेनची आसली तरी 123 कोटींनी उणी आसा. अर्थीक सर्वेक्षण अहवालातल्यान ही म्हायती मेळ्या. फाटल्या 6 वर्सांच्या आकडेवारीचो विचार केलो जाल्यार पयली दोन वर्सा येणावळ उणी जाली. उपरांत ती वाडली. फाटल्या दोन वर्सांत ती परतून उणी जाली. अंदूची येणावण डिसेंबर मेरेन आसा. हाका लागून तीत काय प्रमाणात वाड जातली.

रश्मि 55

6 एप्रील हो भारतीय जनता पार्टीचो स्थापना दीस. ह्या नीमतान भाजपान पक्षावतीन गोंयभर तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन केला अशी म्हायती भाजप गोंय प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दील्या. स्थापना दीसाच्या फांटभुयेर पार्टीचो झेंडो घराचेर लावप,विकसीत भारत हॅशटॅग सेल्फी सर्त,गांव चलो अभियान,बस्ती चलो अभियान,ह्या सारख्यो कार्यावळी जातल्यो. ह्या कार्यावळीत भाजपाचे आमदार,मंत्री ,कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान वाटो घेतले अशी म्हायती दामोदर नायक हांणी दीली.

गणेश 160

स्मार्ट सीटीचीं ९० टक्के कामां पुराय जाल्यांत. न्यायालयाक सादर केल्ल्या प्रतिज्ञापत्रा प्रमाण रस्त्यांचीं कामां ३१ मार्च मेरेन पुराय जाल्यांत, अशी म्हायती इमेजीन स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजित रॉड्रिग्स हांणी दिली.सेंट्रल ड्रेनेज (मध्यवर्ती गटार यंत्रणक) लागून पणजेचो १८ जून रस्तो, आत्माराम बोरकर रस्तो आनी पिसुर्लेकर रस्त्याचें काम स्मार्ट सीटी खाला करपाक मेळचें ना. सरकाराक हे विशीं कळयलां. स्मार्ट सीटी खाला सुरू आशिल्लीं कामां आनी डेडलायनची म्हायती स्मार्ट सीटीचे मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजित रॉड्रिग्स हांणी पत्रकार परिशदेंत दिली.एका याचिके प्रकरणांत स्मार्ट सीटी वतीन २७ जानेवारीक प्रतिज्ञापत्र सादर केल्लें. हातूंत कामाच्या डेडलायनचें पालन स्मार्ट सीटी वतीन जालां. सांत इनेज आनी कॅफे भोसले चौकांतल्या रस्त्यांचीं कामां ३१ मार्च मेरेन पुराय करपाची डेडलायन आशिल्ली. ते प्रमाण कामां पुराय जाल्यांत. रंगकाम, सायनेज, बिटामिनचो थर तशेंच कांय बारीक सारीक कामां ३१ मे मेरेन पुराय

करतले. पुराय जाल्ल्या रस्त्यांचें क्युरींग जाले बगर कांय कामां पुराय करपाक मेळचीं ना, हाका लागून कळाव जाला. झाडां लावपा वांगडा लँडस्केपिंगचें काम ३१ मे २०२५ मेरेन पुराय करतले अशें संजित रॉड्रिग्स हांणी सांगलें.

आयपीएल - 60

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल लखनऊच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ल्याखेळात पंजाब किंग्ज पंगडान लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडाक ८ गड्यानी हारयले.

ह्या जैता उपरांत पंजाब किंग्ज ४ गुणांसयत दुसऱ्या सुवातेर पावला आने लखनऊ पंगड दोन गुणांसयत सव्या सुवातेर आसा. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू गुणतालीकेत पयल्या सूवातेर आसा.

आयज बँगलोरात एम ए चिदंबरम स्टेडियमात आरसीबी आनी गुजरात टायटन्स पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरु जातलो.